**कलाकारांनी सांस्कृतीक केंद्राकडेन नोंदणी करपाची विनंती**

ता. 29 मार्च 2022

गोंय हे पश्चिम विभाग सांस्कृतीक केंद्र, उदयपूरचें एक वांगडी राज्य आसून ह्या केंद्रावतीन गोंय तशेंच हेर राज्यांनीय नेमान कार्यक्रम आनी उपक्रमांचे आयोजन करतात. राज्य आनी केंद्राच्या जोड पालवान संगीत, नाच, नाटक, लोककला, चित्रकला, साहित्य अशां विंगड विंगड सांस्कृतीक कार्यक्रम आयोजीत करतात. देशभर आयोजीत करपात येवपी अशां कार्यक्रमांनी वाटो घेवपा खातीर केंद्र कलाकारांक आनी सांस्कृतीक पंगडांक आमंत्रीत करता.

विंगड विंगड सांस्कृतीक कार्यक्रमांनी वाटो घेवपा खातीर कलाकारांची निवड करपा खातीर केंद्रान कलाकारांची नोंदणी करपाची प्रक्रिया सूरू केल्या आनी त्या खातीर गोंयांतल्या लोकनाच, लोकसंगीत, लोकगीत, लोककला, हस्तकला, लोकवाद्य, शास्त्रीय नृत्य, शास्त्रीय संगीत, कारागिर, सुत्रसंचालन, कोरियोग्राफर, कला दिग्दर्शक आनी हेर कलाकारांनी केंद्राकडेन नोंदणी करपीची विनंती केल्या.

गोंयच्या कलाकारांनी https://wzccindia.com/all-registration-forms/. ह्या वेबसायटीवयल्यान 31 मार्च 2022 मेरेन नोंदणी करची. तशेंच कलाकारांनी आपली म्हायती कला आनी संस्कृती खात्याच्या www.artandculture.goa.gov.in ह्या वेबसायटीचेर अपलोड करची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/207

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji